Panaji National

31 May 2026

6.30PM

## PM Man ki Baat

सध्याच्या उश्ण हवामानांत देशांतल्या लोकांनी चड जतनाय घेवची आनी हे संबंदी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवचो अशें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलां. 'मन की बात' ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळींतल्यान प्रधानमंत्र्यांनी आयज राष्ट्राक संबोधीत करताना सांगलें

## Balkrishana Ayya

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात कार्यावळीत गोयेंच्या लोलीये काणकोणचें निवृत्त शिक्षक बाळकृष्ण अय्या हांच्या यत्नांचेर भर दिलो. तांच्या निर्धाराक लागून थळाव्या वाठारांत बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्लो प्रस्न सोडोवपाक मदत जाली अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

## Bomb Test

हरियाणाच्या पंचकुला जिल्ह्यांतल्या रामगढ वाठारांत संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटनेच्या प्रयोगशाळेंत आयज उच्च विस्फोटक बॉम्बाची येसस्वी चांचणी जाली. ही चांचणी टर्मिनल बॅलिस्टीक रिसर्च लॅबोरेटरींत वायुसेनेच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांच्या देखरेखीखाला घडोवन हाडली.

## Custom Duties on Cotton

सरकारान फुडल्या म्हयन्याच्या पयल्या तारखेसावन अंदूंच्या 31 ऑक्टोबर मेरेन कापसाच्या आयातीचेर तात्पुरती सूट दिल्या. शेतकारांचें आनी पुराय मोल साखळीचें हित मतींत दवरून हो निर्णय घेतला अशें कापड मंत्रालयान अधिसुचोवणे वरवीं सांगलें. तशेंच ऑफ सीझनांत चालीक लायिल्ल्या ह्या उपायाक लागून कापड उद्देगा खातीर कापसाची फावो ती उपलब्धताय सुनिश्चीत जातली, सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक आदार मेळटलो, उत्पादन खर्च नियंत्रणांत उरतलें

आनी भारतीय कापड उद्देगाची स्पर्धात्मकताय घटमूट जातली अशें सांगून ह्या उपाया वरवीं शेतकारांचें हित राखून बाजारांत स्थिरताय सुनिश्चीत जातली हाचेर मंत्रालयान भर दिलो.

## levies on exports of petrol

केंद्र सरकारान फाल्यां सावन सुरू जावपी पखवाड्या खातीर पेट्रोल, डिझेल आनी विमान इंधनाचेर सुधारित निर्यात शुल्क लागू केलां. अस्तंत आशियांतल्या संकटांक लागून जाल्ल्या अनिश्चिततेन पेट्रोलियम उत्पादनांची देशांन उपलब्धताय सुनिश्चीत करपाचो ह्या निर्णयाचो हेत आसा. अर्थ मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण पेट्रोलाचे निर्यातीचेर दर लिटराक 1.5 रुपया कर, जाल्यार डिझेल निर्यातीचेर दर लिटराक 13.5 रुपया कर लागू जातलो. विमानन इंधनाचेर आता दर लिटराक 9.5 रुपया थारायल्या. सुदारीत शुल्क दर फाल्यां सावन लागू जातले आनी फुडले पंदराशे लागू उरतले.

## Announcement

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. फाल्या हे अर्ज करपाचो निमणो दिस आसा. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

## Weather

भारतीय हवामान खात्यान केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरीन बिरेस्तारा मेरेन व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच फाल्यां मेरेन ओडिशा, कर्नाटक, मध्य प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. उदेंत राजस्थान, गुजरात, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड आनी विदर्भान गडगड आनी गारांच्या वादळाची खर शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान कळींत केलां. मजगतीं, हवामान खात्याच्या म्हायतीप्रमाण, आयज कोंकण आनी गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामान आसपाची शक्यताय आसा.

## Sports

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर 2026 हंगामाचे निमाणे मॅचींत गुजरात टायटन्स आनी डिफेंडिंग चॅम्पियन रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू एकमेकाआड खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो खेळ सुरू जावपाचो आसा. दोनूय पंगड आयपीएलांत आपलें दुसरें खिताब जिखपाचे दिखेन वतलें, गुजरातान 2022न पयलें खिताब जिखलेंले जाल्यार आरसीबी फाटल्या हंगामांत पयलेच फावट जैत मेळयल्ली.